आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरो

13/10/2025

6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आयज नवी दिल्लींत कॅनडाची विदेश मंत्री अनिता आनंद हांची भेट घेतली. भारत-कनाडा द्विपक्षीय भागीदारीक नवी चालना दिवपाच्या यत्नांक ही भेट योगदान दितली अशें सांगून भेटी खातीर तांचे उपकार मानले. ह्या वेळार वेपार, उर्जा, तंत्रगिन्यान, शेती, आनी लोकां मदल्या संबंदांत दोनूय देशां मदीं वाडट्या सहकार्याचें म्हत्व ताणी अधोरेखेती केलें.

ताचे पयली विदेश मंत्री डॉ. एस. जयशंकर  हाणी कॅनडाची विदेश मंत्री अनिता आनंद हांची भेट घेतली.

रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी आयज पुडुचेरींत 2हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या तीन राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांचो बुन्याद फातर घालो. 1हजार 588 कोटी रुपयां खर्चन बांदिल्ल्या राष्ट्रीय म्हामार्ग-32 च्या 38 किमी लांबायेचो पुडुचेरी-पुंडियांकुप्पम विभाग राष्ट्राक समर्पित केलो. तशेंच राष्ट्रीय म्हामार्ग-32 चेर इंदिरा गांधी चौक आनी राजीव गांधी चौक मदीं 436 कोटी रुपया खर्चन 3.88 किमी लांबयेचो मार्ग बांदपाखातीर बुन्यादी फातर  घालो.तशेच 25 कोटी रुपयां खर्चन 13.63 किमी लांबायेच्या ईस्ट कोस्ट हायवे कामांचोय बुन्यादी फातर  घालो.

फाटल्या वर्सा चालिक लायील्ल्या तीन मुखेल गुन्यांवकारी कायद्यांक लागून न्यायवेवस्था वेगान आनी सोपी जाल्या अशें घरमंत्री अमित शाहा हाणी  सांगलां. आयज जयपूरांत नवे गुन्यांवकारी कायदे चालीक लावपाक एक वर्स पुराय जाल्या निमतान आयोजित राज्यपांवड्यावेल्या प्रदर्शनाच्या उक्तावणवेळार ते उलयताले.

उत्पादन चलीत अर्थवेवस्थे वरवींच भारत विकसीत राष्ट्र जावंक शकता अशें केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी म्हणला. विकसीत भारत बिल्डथॉन 2025 चें उक्तावण करतना ताणी सांगलें की

हो देशव्यापी उपक्रम शिक्षण मंत्रालयान अटल इनोव्हेशन मिशन आनी निती आयोग हांच्या सहकार्यान घडोवन हाडला.

पीएम गतिशक्ती येवजणेक लागून व्हड प्रमाणांत नियोजन आनी सूक्ष्म पातळेचेर अंमलबजावणी शक्य जाल्या अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. हे येवजणेक 4 वर्सां पुराय जाल्ल्याची निमतान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत ते उलयताले.

ह्यावेलर ताणी पीएम गतिशक्तीच्या 4 नव्या उपक्रमांचें उक्तावण केलें.

आरपीएफ म्हळयार रेल्वे पुलीस दळांतल्या पदां खातीर आतां कर्मचारी निवड आयोगा वरवीं भरती जातली अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी जाहीर केलां. रेल्वे पुलीस दळाच्या 41व्या स्थापणूक दिसा निमतान गुजरातांतल्या वालसाडात आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत ते उलयताले.

तशेंच येवपी दिवाळी आनी छठ पुजे खातीर रेल्वे 12 हजार स्पेशल रेल्वे चलयतले अशी म्हायती तांणी दिल्या.

बिहार विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या टप्प्याची अधिसुचोवणी आयज जारी जाली. ह्या टप्प्यांत 20 जिल्ह्यांतल्या 122 विधानसभा मतदारसंघांचो आस्पाव जाता. उमेदवारी अर्ज दाखल करपाची प्रक्रिया सुरू जाल्या आनी ताची निमाणी तारीख 20 ऑक्टोबर आसा.21 ऑक्टोबराक अर्जांची छाननी जातली, जाल्यार 23 ऑक्टोबर मेरेन उमेदवारी अर्ज फाटीं घेवंक मेळटले आनी मतदान 11 नोव्हेंबराक जातलें.

एक कलोवणी  आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचकाखातीर अर्ज मागयता. अर्जदार पदवीधर आसपाक जाय कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्जपावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज, केरळ, दक्षिण कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकलतल्या काय वाठारांनी चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

स्पोर्ट्स

भारत-वेस्ट इंडीज कस लावपी क्रिकेट खेळामाळेतल्या दुसऱ्या खेळाच्या चौथ्या दिसा निमाणी खबर मेल्ली तेन्ना भारतान दुसऱ्या डावांत __1__गडे व्हगडवून _63_ धांवड्यो केल्यात. भारताक जिखपाक आता फक्त _58_ धांवड्यो जाय.

ताचे आदीं वेस्ट इंडीजान दुसऱ्या डावांत 390 धांवड्यो केल्यात. ताचे आदीं भारतान 5 विकेटींचेर 518 धांवड्यो करून आपलो डाव जाहीर केलो .